प्रादेशिक खबरो  २३.०२.२०२६ @ ७.२५ AM

मोदी 230

फुडाराक संवसार एआयच्या बळग्याचो कसो उपेग करतलो ह्या मार्गांत भारत एआय इम्पॅक्ट समिट हो एक मार्गदर्शक फातर थारला असो अभिमान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी उक्तायलो. आकाशवाणीचेर मन की बात कार्यावळींत उलयतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी नवी दिल्लींतल्या भारत मंडपमांत जावपी एआय इम्पॅक्ट समिट खातीर जायत्या देशांतले फुडारी, उद्देग फुडारी, नवोन्मेषक आनी स्टार्टअप क्षेत्रा कडेन संबंदीत लोक एकठांय आयल्यात अशें म्हणले . जागतीक फुडारी आनी तंत्रगिन्यानाचे सीईओक  मेळपाची संद मेळ्ळी अशें तांणी सांगलें. उत्पादन देशाचे संस्कृताये कडेन संबंदीत आसा अशें मोदी हांणी सांगलें. भारत एआयच्या आदारान प्राचीन ग्रंथ, गिन्यान आनी हातबरपा कशे सांबाळटा तें पळोवन संवसारीक फुडारी अजापीत जाले अशें तांणी सांगलें. प्रदर्शना वेळार सुश्रुता संहिता ही प्रदर्शना खातीर वेंचून काडली अशें तांणी स्पश्ट केलें. तशेंच ह्या काळांत भारतान तीन मेड इन इंडिया एआय मॉडेल बाजारांत हाडले. ही आतां मेरेनची सगळ्यांत व्हडली एआय शिखर परिशद अशे मोदी हांणी हे शिखर परिशदेची तोखणाय केली. ह्या शिखर सभेच्या यशा खातीर तांणी सगळ्या नागरिकांक परबीं दिली. चालू आशिल्ल्या टी-20 विश्वचषकाच्या विशयाचेर मोदी हांणी म्हणले की हे सर्तींत सर्वाधिक  भारतीय वंशाचे खेळगडे आसात. एकाच उदात्त कृतीन असंख्य लोकांचें जिवीत बदलूं येता अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगले. अशें उदात्त काम करपी सगळ्यांची ताणें तोखणाय केली. डिजिटल अटके विशीं उलयतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी म्हणलें, मन की बात हातुंत डिजिटल अटक आनी डिजिटल फटवणूक हांचे विशीं उलयल्या उपरांत समाजांत खूब जागृताय निर्माण जाल्या. परिक्षा झुजाऱ्यांच्या विशयाचेर प्रधानमंत्र्यान विद्यार्थी पुराय मना सावन  परिक्षेची तयारी करतात आनी ताणतणाव घेनात  अशी आस्त उक्तायली. मोदीनी सगळ्यांक रमजान म्हयन्याची आणि येवपी होळीची परबीं दिली.

गणेश 70

राज्यात जावपी आध्यात्मिक महोत्सवात वाटो घेवपा खातीर केंद्रीय मंत्री चिराग पासवान हे गोंयांत आयला. सूर्य, रेव आनी मौज मजेसयत दैवी परंपरा आशिल्ल्या गोंयची आध्यात्मिक वळख आता संवसाराक जावपाक लागल्या, अशें केंद्रीय मंत्री चिराग पासवान हांणी म्हणला. . गोंय हे एक नामनेचे पर्यटन थळ आसा. गोंयात दर्यादेगो आनी सैमीक सोबीतकाय पळोपा खातीर हजारांनी पर्यटक येतात. गोंयांत तरेकवार देवळां आसा. आध्यात्मिक पर्यटना खातीर लेगीत गोंय हे सर्वोत्तम थळ आसा, ही गजाल लोकांमेरेन आता पावपाक लागल्या, अशें चिराग पासवान हांणी म्हणला.

गणेश 160

अधिवेशनाचे कामकाज थारोपा खातीर कामकाज सल्लागार समितीची बसका बुदवारा 25 फेब्रुवारीक सकाळी 11 वराचेर जातली अशी माहिती विधीमंडळ फाट्याच्या गोपां कडल्यान मेळ्ळी. हे बसकेक अर्थसंकल्प मांडपाची तारीख तशेच अधिवेशनातल्या कामकाजाचेर चर्चा जातली.गोंय विधानसभेचे अर्थसंकल्पी अधिवेशन 6 मार्च ते 27 मार्च मेरेन जातले अशे राज्यपालांनी अधिवेशनाचे समन्स जारी केलां. तरेकवार खात्यांकडेन बसका घेवपा सयत मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी अर्थसंकल्पाची तयारी सुरू केल्या. दर दिसा येवपी लक्षवेधी सूचोवण्यो, खासगी प्रस्ताव तशेच चर्चेक आमदारांक कितलो वेळ दिवचो, हाचेर बसकेत चर्चा जातली. अर्थसंकल्पी अधिवेशन 14 दिसांचे आसतले.

सुभाष ११०

नव्या शिक्षणीक वर्सा म्हळ्यार 2026-27 वर्सा सावन राज्य सरकारान गोंय शालांत मंडळ संलग्न शाळांच्या सगळ्या वर्गांत राष्ट्रीय शिक्षण धोरण (एनईपी) शिफारशी चालीक लावपाचो निर्णय घेतला. 2025-26 मेरेन एनईपी नर्सरी पांवड्यार, तिसऱ्या वर्गांत, सव्या वर्गांत, आनी णववी आनी धाव्या वर्गांत चालीक लायील्ली. नव्या वर्सा म्हळ्यार एप्रिल २०२६ सावन , ती आता पयल्या-दुसऱ्या वर्गांत, चवथ्या वर्गांत-पंचव्या वर्गांत, आनी सातव्या-आठव्या वर्गांतय चालीक लायतले अशें गोंय राज्य

शिक्षणीक संशोधन आनी प्रशिक्षण मंडळ SCERTन जारी केल्ल्या परिपत्रकांत म्हणला .

दीवचलीतल्या मुळाव्या शाळेंतल्या विद्यार्थ्यां खातीर 'नवचैतन्य कृपापर्व' खेळां कार्यावलीचे खासदार सदानंद तनावाडे हांणी दीवचलीतल्या श्री छत्रपति शिवाजी महाराज मैदानांर  उक्तावण केलें कार्यावळींत उलयतना खासदार तनावाडे हांणी मुळाव्या शाळांक विद्यार्थ्यांची वाड आनी फुडाराच्या उदरगतीचें पयलें पावल अशें सांगलें. **(एनईपी)**

स्पोर्ट्स २०

म्हापसा धुलेर मैदानाचेर सुरु अशील्या खेलो इंडिया आदिवासी खेळा सरतिच्या फुटबॉल पात्रता सरतीत गोय पगडान दादरा हवेली दिव दमण पगडाक ४ आड 0 गोल फरकान हारायले

वेदर 40

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आयज पणजेत चडात चड तापमान ३५.९डिग्री सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे २३.५ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यत हवामान सुकें आसतले.कायकडे हलके धुके पडू येता अशे वेधशाळेन म्हणला